आकाशवाणी पणजी

केंद्राच्या प्रादेशिक खबरा विभागा

१४.2 .२०२६ @ ७.20 pm

मुखेल खबरो

गोंय कार्नावल महोत्सवाची सुरुवात आयज राजधानी पणजीतल्यान जाली. ह्यावेळार मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी बावटो दाखोवन मिरवणुकीचे उक्तावण केले.

केरळ राज्यातल्या त्रिवेंड्रम नगरपालिकेचेर भारतीय जनता पार्टीच्या वेचून आयिल्लया नगरसेवकांनी आयज पणजे भाजप कार्यालयाक भेट दिली.

म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्यान आयोजीत केल्लो शिवजयंती उत्सव 19 फेब्रुवारीक फार्मागुडी, फोंडा हांगा मनयतले.

मडगाव हांगाच्या समाज सेवा संघाचे अध्यक्ष आनी उद्देजक सुदीन नायक हांणी आयज कृत्रिम बुद्धी (एआय) आनी तंत्रगिन्यान शिक्षण पद्दत आशिल्ल्या शाळांक सरकारान खाशेली अनुदान दिवची अशी मागणी केली.

फाल्या पुराय देशभरासयत गोयातूय शिवरात्र परब व्हडा भक्तीभावान आनी उर्बे उमेदीन मनयतले

गोंय कार्नावल रश्मी 200

गोंय कार्नावल महोत्सवाची सुरुवात आयज राजधानी पणजीतल्यान जाली. ह्यावेळार मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी बावटो दाखोवन तशेंच बोमाडे हुबोवन कार्नावल महोत्सवाच्या मिरवणुकीचे उक्तावण केले. खायात, पियात आनी मजा करात असो संदेश अंदुचो किंग मोमो सेट्रीक डीकोस्टा हाणी दिलो. उपरांत मिरवणुकीची सुरुवात जाली. उक्तावण सुवाळ्यावेळार पर्यटन मंत्री रोहन खंवटे तशेंच राज्यसभेचे खासदार सदानंद शेट तानावडे, साळगावंचे आमदार केदार नायक,पणजी म्हापालिकेचे मेयर रोहित मोन्सेरात तशेचं हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले. पणजे कार्नावल पळोवपाक गोंयकारांसयत, देशी तशेचं विदेशी पर्यटकांनी गर्दी केल्ली. ह्यावेळार गोंयची गिरेस्त संस्कृताय दाखोवपी चित्ररथ, तशेच गोयच्या कोकणी भाशेतल्या गीतांचेर नाच, परेड

डान्स, फेन्सी ड्रेसाच्या वेगवेगळया पांत्रांनी लोकांची मनरिजवण केली. १९६५ वर्साससावंन गोंयांत सुरु जाल्लो कार्नावल महोत्सव वर्सान वर्स व्हडलो जायत आसा अशे ह्यावेळार पर्यटन मंत्री रोहन खंवटे हांणी सांगले. गोंयची संस्कृताय लागच्यान जाणुन घेवपाक गोंयाभायले पर्यटक ह्य कार्नावालक हाजेरी लायतात, ताका लागुन सांजांव, चिखल कालो, तशेच गोयच्या पंरपरा पर्यटन मळावेल्या अशा पर्यटकामुखार दवरपाक गोंय पर्यटन खाते काम करता अशे तांणी म्हळे. गोयचो सर्वधर्म समभाव अश्या महोत्सवातल्यान दिसता अशे तांणी मुखार सांगले. कार्नावाल महोत्सवातल्यान गोंय सरकार गोंयच्या सांस्कृतीक पर्यटनाक उर्बा दिता. गोंय हे नामनेचे पर्यटन थंळ म्हण ओळख दवरपाक कार्नावाल महोत्सव महत्वाची भुमिका साकारता, गोंयचो कार्नावाल महोत्सव जवाबदारीन आनी उमेदिन मनयात अशे ह्यावेळार उलयताना मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हाणी सांगले.

केरळ वेचणुक रश्मी १७०

केरळ राज्यातल्या त्रिवेड्रम नगरपालिकेचेर भारतीय जनता पार्टीचे ४५ वर्सानी कमळ फुल्ले. ही वेचणुक ९ डिसेंबर २०२५ वर्सा जाल्ली. वेचून आयिल्लया केरळच्या नगरसेवकांनी आयज पणजे भाजप कार्यालयाक भेट दिली. ह्यावेळार गोय प्रदेशाध्यक्ष दामोदर नायक तशेच मंत्री विश्वजीत राणे पणजी म्हापालिकेचे मेयर रोहित मोन्सेरात हांची भेट घेतली. १०१ नगरसेवकातले ५० भाजपाचे नगरसेवक वेचून आयल्यात. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी तशेचं भाजप राष्ट्रीय प्रदेशाध्यक्ष नितीन नबीन, केरळाचे अध्यक्ष राजीव चंद्रशेखर हांका केरळात पयले फावंट कमळ फुल्ला हाचे विशी उमेद जाल्या अशे दामोदर नायक हांणी म्हणला. हे नगरसेवक दोन दिस गोयात आसतले. पणजी म्हापालिकेचो कामकाजाचो नियाळ केरळचे नगरसेवक घेतले, विकसित भारत करपाच्या नदरेतल्यान गोंयात कशें काम चलता, सरकारी प्रकल्प, कामकाज, हे विंशी ह्यावेळार तांका म्हायती दितले. मुखेलमंत्र्याकडे भेट घेवन राजकी विशयाचेर चर्चा ते करतले, दायज थलांचेर तांची भोंवडी आसतली. विकसित भारत करतना, विकसित केरळ करपाक हे नगरसेवक काम करतले अशी म्हायती दामोदर नायक हांणी दिल्या. केरळात भाजपाखातीर काम करुन भौमत मेळोवपाक जे कश्ट केला ताची चीज जाली अशे ह्या वेळार मंत्री विश्वजीत राणे हांणी म्हणला.

शिवजयंती 175 प्रसाद पै

म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्यान आयोजीत केल्लो शिवजयंती उत्सव 19 फेब्रुवारीक फार्मागुडी, फोंडा हांगा मनयतले. अशे फोंडा हांगा घेतील्ल्या पत्रकार परिषदेत माहिती आणि प्रसिद्धी खात्याचे उपसंचालक पंकज मराठे, अधिकारी शांतो नाईक, सिद्धेश सामंत, पत्रकार नरेंद्र तारी आणि हेअर मानेस्तानी दिली. सुरवेक मुख्यमंत्री डॉ प्रमोद सावंत छत्रपती शिवाजी महाराज्यांच्या पुतळ्याक फुलाहार घालून आर्गा ओपतले. दीसभर चलपी ही कार्यावळ सकाळीं 8.45 वरांचेर बाल भवन भुरग्यांच्या पोवाडांचें सादरीकरण (गायन) करून सुरू जातली. उपरांत मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत फार्मागुडी हांगा गोंयचे आदले मुख्यमंत्री सर्गेस्त दयानंद बांदोडकार हांच्या पुतळ्याक फुलाहार घालतले. मुखेल कार्यावळ फार्मागुडी हांगाच्या श्री गणपती देवळाच्या आवारांत जातली. डॉ प्रमोद सावंत तशेच हेर मंत्री हे निमतान लोकांक संबोधीत करतले. तशेंच छत्रपती शिवाजी महाराजाच्या जिविताचेर आनी वावराचेर हायस्कूल आणि उच्च माध्यमीक पांवड्यावेल्या विद्याथ्यां खातीर “नाट्य प्रवेश सर्त” आनी अखिल गोंय “इंटर-कॉलेजिएट क्विझ” जातलो. ह्या उत्सवाची खाशेली गजाल म्हळ्यार 18 फेब्रुवारी ते 24 फेब्रुवारी 2026 मेरेन राज्यभर छत्रपती शिवाजी महाराजाच्या जिविताचेर इतिहासीक नाटकां जातली अशी म्हायती खात्याचे उपसंचालक पंकज मराठे हाणी दिली. इत्सूकांनी आपली नाव नोंदणी पणजे हांगच्या उद्योग भवनांतल्या म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्यांत सादर करू येता अशे कळीत केला.

सुशांत 290

मडगाव हांगाच्या समाज सेवा संघाचे अध्यक्ष आनी उद्देजक सुदीन नायक हांणी आयज कृत्रिम बुद्धी (एआय) आनी तंत्रगिन्यान शिक्षण पद्दत आशिल्ल्या शाळांक सरकारान खाशेली अनुदान दिवची अशी मागणी केली. आयज या शाळेतल्या एआय केंद्राच्या विद्यार्थ्यांनी तयार केल्ले रोबोट्स आणि हेर आविष्कारांचे प्रदर्शन आशिल्ले त्यावेळार या संघाचे अध्यक्ष सुदिन नायक हाणी ही मागणी केली. ह्या प्रदर्शनाचे उक्तावण भौषिक बांधकाम खात्याचे मंत्री दिगंबर कामत हाणी केले. अनुदानाचे मागणेक जाप दितना मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांचे कडेन हेवीशी चर्चा करून येता त्या अदमासपत्रकात ते विशी तजवीज करू येता काय ना हाचेर निर्णय घेवपाचे उतर

दिले. विकसीत भारताच्या प्रवासांत तंत्रगिन्यानाची भुमिका म्हत्वाची आसा. आतां मुळाव्या शाळेंतल्या विद्यार्थ्यांक लेगीत प्रयोगशाळेंत वचूंक मेळटा हो बदल खूब येवकार दिवपा सारको आसा. भारताचे प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी 2047 मेरेन विकसीत भारताचे सपन पळयतात . त्या हावेसांत तंत्रगिन्यानाचो म्हत्वाचो वांटो आसा अशें कामत हाणी ह्यावेळार सांगले.

आयच्या विद्यार्थ्यांची एआय, रोबोटिक्स, कोडिंग हांचे कडेन आशिल्ली प्रवृत्ती मतींत घेवन भौशीक बांदकाम मंत्री दिगंबर कामत हांणी विकसीत भारताचें सपन देश नक्कीच साकार करतलो असो विस्वास उक्तायलो. महिला आनी नूतन इंग्लीश हायस्कुलांतलें एआय आनी रोबोटिक्स सेंटर 2023 वर्सा सुरू जाल्लें.हातूंत तीन प्रयोगशाळा आसात आनी अमेरिकन तंत्रगिन्यानाचो वापर करून विद्यार्थ्यांक प्रशिक्षण दितात. हो तीन वर्सांचो अभ्यासक्रम. दर वर्सा विद्यार्थ्यांक प्रमाणपत्रां दितात अशी म्हायती सुदीन नायक हांणी दिली. प्रायोगिक, वेव्हारीक शिक्षण ह्या केंद्रांत दितात. भुरग्यांक सर्किट आनी कोडिंग हांचे प्रशिक्षण दितात. राज्य आनी राष्ट्रीय पांवड्यार जायत्या प्रदर्शनांनी ह्या केंद्राच्या विद्यार्थ्यांक इनामां मेळ्ळ्यांत अशीय म्हायती ह्या संदर्भार दिली. शाळेची पालक शिक्षक संघटणा ह्या केंद्राच्या संचालनाक आदार दिता अशें नायक हांणी सांगलें. दुसरी ते धावे मेरेनच्या विद्यार्थ्यांनी ह्या प्रदर्शनांत 14 वेगवेगळे प्रकल्प सादर केल्यात.

प्रसाद पै 160

नॅशनल फॉरेंसिक सायन्सेस युनिव्हर्सिटी (एनएफएसयू), गोंय कॅम्पसान, आयोजीत केल्ल्या आनी तंत्रीक नदरेन सॉफ्ट कंप्यूटिंग रिसर्च सोसायटी (एससीआरएस) हांणी पुरस्कृत केल्ल्या संचारण आनी संगणकीय तंत्रज्ञानाचेर आठवे आंतरराष्ट्रीय परिशदेचें

(आयसीसीटी 2026) काल कुर्टी, फोंडा हांगा उक्तावण केलें. उक्तावण सूवाल्यात मुखेल सोयरो म्हूण (डीजीपी)आलोक कुमार, मानाचे सोयरे म्हूण अध्यक्ष आनी वेवस्थापकीय संचालक, गोवा शिपयार्ड लिमिटेड, वास्कोचे ब्रजेश कुमार उपाध्याय, कार्यावळीचे अध्यक्षपदाचेर एनएफएसयू गोवा कॅम्पस संचालक डॉ.(प्रो.) नवीन कुमार चौधरी; आनी एससीआरएस, नवी दिल्लीचे अध्यक्ष प्रा.जगदीश चंद बंसल हाजिर अशिलले. एनएफएसयू गोंयचे डीन (शिक्षणीक) डॉ.लोकेश चौहान हांणी परिशदेची खर निवड प्रक्रिया सांगली. आनी संगणकीय उदरगतीची परिवर्तनकारी भुमिका उक्तायली, सुमार 9 देशांतल्यान- बांगलादेश, फ्रांस, भारत, मोरोक्को, नायजेरिया, सर्बिया, अमेरिकेचीं संयुक्त संस्थानां, उझबेकिस्तान, आनी व्हिएतनामांतल्यान 1,357 पेपर सादर केल्यात अशें नोंद केलें. ह्या परिशदेंत प्रगत संचारण प्रणाली, मशीन लर्निंग, सॉफ्ट कंप्यूटिंग, IoT, सायबर सुरक्षा, डेटा विश्लेशण, आनी सिग्नल प्रक्रिया हांचेर समांतर तंत्रीक ट्रॅक आसात, तातूंत मुखेल भाशणां आनी पेपर सादरीकरणां आसात. भारत आनी संवसारांतले तज्ञ, संशोधन विद्वान, विद्यार्थी सादर करतात. ही मुखेल कार्यावळ एनएफएसयू गोंयच्या शिक्षणीक प्रसारांत एक मार्गदर्शक थारायतली.

जाण कीर्तन महोत्सव 75

केरी - फोणेंच्या श्री विजयादुर्गा देवस्थानात काल सावन चार दिसांचो कीर्तन महोत्सव सुरू जाला. सर्गेस्त दत्तदास बुवा घाग हांच्या यादीन हो पयलोच कीर्तन महोत्सव ओंदू आयोजित केलां.

शिवरात्रि 65

फाल्या पुराय देशभरासयत गोयातूय शिवरात्र परब व्हडा भक्तीभावान आनी उर्बे उमेदीन मनयतले. गोयातल्या साबार भगवान शंकर तशेच हेर देवळांनी शिवरात्र भक्तीभावान आनी उर्बे उमेदीन मनयतले.